**06 dec 2025** **7.20pm**

20 डिसेंबराक जावपी जिल्हा पंचायत वेचणुके खातीर आयज शनवारा तरेकवार मतदारसंघात मेळोन 25 उमेदवारानी अर्ज सादर केले. राजकी पक्षां कडल्यान उमेदवार जाहीर करपाची मोहीम नेटान सूरू आसा. आरजीन शुक्रारा 14 जाल्यार शनवारा आनीक 2 उमेदवार जाहीर केले. काँग्रेसीन 11 उमेदवार जाहीर केले. भाजपान हाचे पयली 40 उमेदवार जाहीर केल्या. उमेदवार जाहीर जाल्ल्यान सगळ्या पक्षांनी प्रचाराक सुरवात केल्या. उमेदवार जाहीर जाले आसले तरी काँग्रेस, गोवा फॉरवर्ड आनी आरजी कडल्यान युतीची चर्चा सूरू आसा.

आखाती देशांनी 7 हजार गोंयाकारांनी स्थलांतर केला आनी 6 देशांनी ते काम करतात. गोंयकारा सयत हेर देशांतल्या स्थलांतर केल्ल्या भारतीयांक आखाती देशांनी सुरक्षा आनी भलायकी दिवपा खातीर भारत सरकारान विविध येवजण्यो राबयल्यात, अशी माहिती केंद्रीय परराश्ट्र वेव्हार राज्य मंत्री किर्ती वर्धन सिंह हांणी दिली.आखाती देशांनी भारतीय सुरक्षा, राखण आनी भलयाकी दिवपा खातीर भारत सरकार उच्च प्राधान्य दिता. सरकारान विविध उपक्रम जशे प्रवासी भारतीय बिमा येवजण आनी प्रस्थान जावचे पयलीची दिशा आनी प्रशिक्षण चालिक लायता, अशे ताणी सांगले.

होमगार्ड आनी सिव्हिल डिफेन्साचे 63वे वर्सुकी ‘रेसिंग डे’ कार्यावळ आयज पणजेच्या पुलीस मुख्यालयाच्या मैदानाचेर जाली. मुखेल सोयरे जावन गोंयचे पुलीस महासंचालक श्री आलोक कुमार आयपीएस हांणी होमगार्ड आनी नागरी संरक्षणाच्या वांगड्यांची समाजांत दिल्ल्या योगदाना खातीर आनी गरजेच्या वेळार पुलीस दळाक दिल्ल्या मजती खातीर तोखणाय केलीजायते फावटीं नागरी संरक्षण आनी होमगार्डीचें योगदान उणें अशें श्री आलोक कुमार हांणी सांगलें.श्री कुमार हांणी फुडें गोंयांतल्या होमगार्डाच्या आंकड्यांची तांक 1000 कशी हुंपल्या हाचेर उलयलें.पूण नागरी संरक्षणाची तांक अजूनय उणी आसा अशें सांगून चड लोकांनी मुखार येवन नांव नोंद करून राष्ट्राक आपली सेवा दिवपाचो उलो मारलो. नागरी संरक्षणांत नोंदणी वाडोवपा खातीर फकत रस्तो नकासो तयार करचो न्हय तर नोंदणी केल्ल्यां खातीर क्षमता निर्माण करपाचे उपाय सुरू करचे अशें तांणी संबंदीत संस्थेक सांगलें.हाचे आदीं डाय. एसपी, कनिश्ट कर्मचारी अधिकारी नागरी संरक्षण आनी जिल्लो कमांडंट, होमगार्ड, श्रीमती एस. एझिल्डा डी सोझा, हांणी नागरी संरक्षण आनी होमगार्ड संघटनेच्या वावराची एक नियाळ दिलो.हाजीर आशिल्ले पुलीस उपमहानिरीक्षक श्रीमती एस. वर्षा शर्मा, पुलीस कर्मचारी, होमगार्ड आनी नागरी संरक्षण स्वयंसेवक आनी हेर.

प्रधानमंत्री, नरेंद्र मोदी हाणी  सुरू केल्लो अद्‌वितीय परस्पर संवादात्मक कार्यक्रम, परीक्षा पे चर्चाची णववी आवृत्ती सुरू जातली. हातूत  भारत आनी परदेशांतले विद्‌यार्थी, पालक, आनी शिक्षक प्रधानमंत्र्यावांगडा  परिक्षेच्या ताणाचेर चर्चा करपाक शकतात आनी परिक्षेक एक  उत्सव आनी जिणेचो एक अभिन्न भाग म्हूण मनयतात.ह्या कार्यावळींत सहभागी जावपी व्यक्तींची निवड करपा खतिर  भाग घेवप्याची निवड मायगॉव पोर्टलाचेर 1 डिसेंबर 2025 ते 11 जानेवारी 2026 मेरेन ऑनलायन एमसीक्यू आदारीत सर्त घडोवन हाडटात.6 ते 12 वी  वर्गांत शिकपि विद्‌यार्थी  , शिक्षक आनी पालक हांका सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलो.

**मतदार वळेरी पुनरिक्षण नोव्हेबरा सावन गोयात सुरु जाला हे विशी मुखेल वेचणुक अधिकारी संजय गोयल हांचेकडे आमचे प्रतिनिधी उलयले**

अनुसूचीत जमातीतल्या विद्‌यार्थ्यांक स्पर्धात्मक परीक्षां खातीर आर्थिक मजत दिवपी भगवान बिरसा मुंडा लक्ष्य सिद्‌धी योजना लावार्थ्या मेरेन पावोवपाक उच्च माध्यमिक शाळांच्या मुखेल्यांनी येत्न करचे अशें राज्याच्या आदिवासी कल्याण संचालनालयान मांगलां. भगवान बिरसा मुंडा लक्ष्य सिद्‌धी येवजणेखाला विज्ञान फाट्यांतल्या अकरावी आनी बारावी यत्तेखातीर दोन वर्सां नीट आनी जेईई परीक्षे खातीर प्रशिक्षण घेवपाक वट्ट ३ लाख रुपयांची अर्थीक मजत मेळटा. ही येवजण चडान चड विद्‌यार्थ्यां मेरेन पावची हे खातीर शाळा मुखेल्यांनी : ह्या येवजणेविशी शाळांनी पोस्टर लावचे , सूचना फलकाचेर म्हायती दिवंची , अर्ज करचे खातीर मजत करची अशेंआदिवासी कल्याण संचालनालयान कळींत केलां

सध्या सुरू असलेल्या विमानवाहतुकीमध्ये व्यत्ययाच्या पार्श्वभूमीवर काही विमान कंपन्यांकडून जरुरीपेक्षा जास्त विमानभाडे आकारले जात असल्याची  गंभीर दखल नागरी उड्डाण मंत्रालयाने घेतली आहे. कोणत्याही प्रकारच्या संकटामुळे भाड्याच्या किंमतींपासून प्रवाशांचे संरक्षण करण्यासाठी, मंत्रालयाने सर्व प्रभावित मार्गांवर योग्य आणि वाजवी भाडे सुनिश्चित करण्यासाठी त्यांच्या नियामक अधिकारांचा वापर केला आहे.सर्व विमान कंपन्यांना अधिकृत निर्देश जारी करण्यात आले आहेत ज्यात आता निर्धारित केलेल्या भाडे मर्यादांचे काटेकोरपणे पालन करणे बंधनकारक आहे. परिस्थिती पूर्णपणे स्थिर होईपर्यंत हे मर्यादा लागू राहतील. या निर्देशाचे उद्दिष्ट बाजारात विमान भाड्याच्या रकमेत  शिस्त राखणे, संकटात असलेल्या प्रवाशांचे कोणत्याही प्रकारचे शोषण रोखणे आणि ज्येष्ठ नागरिक, विद्यार्थी आणि रुग्णांसह ज्यांना तातडीने प्रवास करण्याची आवश्यकता आहे अशा नागरिकांना - या काळात आर्थिक अडचणींना सामोरे जावे लागू नये सुनिश्चित  करणे हे आहे.

सुटके झुजारी लक्ष्मीदास कृष्ण बोरकर हाची 25 वी पुण्यतिथ  फोंडाच्या फार्मागुडी हांगाच्या ज्ञानदा - स्वातंत्र्य झुजारी लक्ष्मीदास कृष्ण बोरकार स्मारक सभाघरात

मनयली. लक्ष्मीदास बोरकार जल्म शतवार्षिक उत्सव समिती आनी आयएमए फोंडा धर्मार्थ ट्रस्ट हांणी संयुक्तपणान ही कार्यावळ घडोवन हाडली.लक्ष्मीदास बोरकाराच्या वावराक आयज लेगीत मान्यताय मेळिल्ल्यान ताच्या व्यक्तिमत्वाचें व्हडपण आनी ताच्या विचारांची सातत्यान उपेगीपण उजवाडाक येता अशें कार्यावळीचे मुखेल सोयरे डॉ.नारायण देसाय हांणी आपल्या उलोवपांत सांगलें.गिरीश केळकारान कार्यावळीचेर टिप्पणी करतना बोरकार कुटुंबा कडेन आशिल्ल्या आपल्या कुटुंबीक संबंदाचो आनी लक्ष्मीदास बोरकाराचो व्यापक प्रभावाचोय उल्लेख केलो.दिग्दर्शक ज्ञानेश मोघेचो लक्ष्मीदास बोरकाराच्या जिविताचेर आनी वावराचेर आदारिल्लो डॉक्युमेंटरी "दास- पर्व" ह्या संदर्भार प्रदर्शीत जालो. लक्ष्मीदास बोरकर हाणें बरयल्ल्या अठरा जून: एक क्रांतियात्रा ह्या नामनेच्या कोंकणी पुस्तकाचीं तीन डिजिटल आवृत्ती ह्या संदर्भार प्रदर्शीत जालीं. कार्यावळीच्या खाशेल्या अधिवेशनांत प्रवीण सबनीस आनी गुरूदास सावाळ हांणी लक्ष्मीदास बोरकारान गोंय मुक्ती उपरांत लोकसत्ता खातीर बरयल्ल्या नामनेच्या स्तंभाचेर भासाभास केली.

90छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या काळांतलीं 250 परस चड दुर्मिळ आनी इतिहासीक शस्त्रां दिल्लींत 13 ते 15 डिसेंबर मेरेन नवी दिल्लींतल्या प्रतिश्ठीत ‘भारत मंडपम’ (इंद्रप्रस्थ) हांगा जावपी ‘सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सवांत’ दाखयतले.  अशी म्हायती सनातन संस्थेचे राष्ट्रीय प्रवक्ते श्री. अभय वर्तक हांणी दिली सनातन संस्थेच्या रुप्याच्या महोत्सव वर्साच्या निमतान राश्ट्रीय राजधानींत 13 ते 15 डिसेंबर मेरेन तीन दीस ‘स्वराज्यच शौर्यनाद’ नांवाचें भव्य प्रदर्शन आयोजीत करतले. हें प्रदर्शन सगळ्यां खातीर हॉल क्रमांक 12 हांगा उक्तें आसतलें.ह्या प्रदर्शनांत छत्रपती शिवाजी महाराज हांणी हातांत घेतिल्लीं जायतीं शस्त्रांय पळोवंक मेळतली. हाचे वांगडाच मराठा साम्राज्याच्या हेर सेनापतींचें शस्त्रां आसतलीं. तातूंत सरसेनापती हांबीरराव मोहितेचें भाले सारकिल्ल्या तरेकवार शस्त्रांचो आस्पाव जातलो.तशेंच महाराणा प्रतापाच्या काळांतलीं शस्त्रां, कर्नाटकांतल्या विजयनगर साम्राज्यांतलीं तलवारीं, शिवयुगीन झुजाची परंपरा, धातूविज्ञान, ‘लोखण ते शस्त्र’ हे संकल्पनेचेर आदारिल्ली मराठा शस्त्रां तयार करपाची प्रक्रिया आनी मराठा रणनिती बुध्दीचें तत्वगिन्यान . तशेंच हिंदू बायलांन आत्मरक्षणा खातीर वापरिल्लीं शस्त्रां दाखयतले, तातूंत त्या काळांतल्या बायलांची झुजांतली झुजारी शक्त आनी भुमिका उजवाडाक येतली. हें फकत प्रदर्शन न्हय तर एक आध्यात्मिक आनी इतिहासीक अणभव, जो हिंदावी स्वराज्याच्या तेजस्वीतेंतल्यान ‘सनातन राष्ट्राक’ नवी प्रेरणा दितलो अशें तानी सांगले सनातनराष्ट्रशंखनाड डॉट इन ह्या संकेतथळार आपलीं नांवां नोंद करून हो महोत्सव पळोवपाक आनी वांटो घेवपाकय श्री अभय वर्तक हांणी आवाहन केलां.